# राज्यपालाकडल्यान रामनवमीची परबीं

ता.24 मार्च 2018
3 चैत्र 1940

राज्यपाल डॉ.(श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी गोंयच्या लोकांक रामनवमीची परबीं भेटयल्या.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, 'रामनवमी म्हळयार भगवान विष्णूचो सातवो अवतार श्री रामाचो जल्म दीस. हया दिसा संवसारभरातले असंख्य भक्तगण श्री रामाची पूजा करतात. श्री राम एक आदर्श व्यक्तीमत्व वा ''पुरूषोत्तम''. धर्म आनी ईश्वरी तत्वांप्रमाण प्रत्येकान आपली जीण कशी जगची हाचे ते महान उदाहरण आसात. ते दया, नम्र, सत्य आनी प्रामाणिकतेचे मूर्तरूप आशिल्ले. संवसारात तांचेकडेन सगळे अधिकार आसूनय ते शांत आनी दयाळू आशिल्ले. ते व्हड आनी उदार मनाचे आशिल्ले. जांव मागीर ते जीणेच्या वेगवेगळया प्रसंगार खंबीपणान तांच्या वांगडा राविल्ल्या आपल्या अर्धांगिनी सीतेविशी मोग आनी आदर दाखोवपाबाबतीत वा शबरी, जीणे उश्टायिल्ली बोरा फाटीफुडें जायनासतना खावन तीची आपल्याचेर आशिल्ली खरी श्रध्दा आनी भक्ती पळोवपाबाबतीत वा जाव ती अहिल्या, जीका ताणे स्रापातल्यान मुक्त केले वा कैकयी, जी तांचेबाबतीत क्रूरपणान वागून लेगीत तीका आपल्या मातेप्रमाण मानून सदाच मानसन्मान दिवपाचे बाबतीत आसू. तांका आपल्या जीणेत सगळया बायलांप्रती भरपूर आदर आशिल्लो आनी देखून तांका मर्यादा पुरूषोत्तम म्हणटात. तांच्या जीणेचो बारकायेन अभ्यास केलो जाल्यार एक आदर्श पुत्र, आदर्श बंधू, आदर्श पती आनी आदर्श राजा कसो आसचो हे आमी शिकतले. तांचे अयोध्येतले शासन रामराज्य म्हळयार आदर्श राज्यकारभाराचे युग मानतात.

राम नवमीच्या हया शुभ प्रसंगार आमी श्री रामाची शिकवण आनी आदर्श घेवन कसलोय स्वार्थ पळयनातसतना आपले कर्तव्य पार पाडूया आनी आमी आमच्या जीणेत सत्य, प्रामाणिकपण, नम्रता आनी उजू चलणूकेच्या मार्गान वाटचाल करपाची प्रतिज्ञा करूया. हया वर्साची राम नवमीची परब लोकांमदी शांतीकाय, भरभराट आनी एकजूटीचे नवें पर्व घेवन येव, अशें राज्यपाल फुडें म्हणटा.